Panaji regional news

27.06.2025….7.20pm

आकाश्वणि पणजि

प्रादेशिक खबरा

मुखेल खबरो

- सरकाराच्या येवजणेचो लाव घेंवन तरणाट्यानी मध्यम ल्हान आनी सूक्ष्म मळार वेवसाय करपाच्या सदेचो लाव घेवचो अशे अवाहन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला.
- मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी आयज जगन्नाथ यात्रेचो रथ वोडपाची धर्मिक वीधी जाली
- आदीवासी कल्याण आनी उदरगतीच्या नदरेतल्यान केंद्र सरकारान चालक लायील्ले धरती आभा जन जातीय ग्राम उत्कर्ष येवजण गोंयात 3 जुलैयाक सांगे मतदारसंघात launch करतले अशी म्हायती समाज कल्याण खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी दील्या
- कर्मचारी भरती आयोगान जायरात दिल्ल्या शिक्षक, लायब्ररीयन, तांत्रिक अधिकारी पदा खातीरची पयली सीबीटी परीक्षा 27 जुलयाक जातली.

आता पुराय खबरो

सावंत एम एस एम ई १२०

गोय हे आंतरराश्टीय पांवड्यावेले पर्यटन थळ ,ताका लागुन पर्यटन मळार मध्यम ल्हान, ,आनी सूक्ष्म मळार वेवसाय करपाक खुप संद आसा. हाका लागुन राज्य आनी केद्र सरकाराच्या येवजणेचो लाव घेंवन तरणाट्यानी हया सदेचो लाव घेवचो अशे अवाहन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला. ते गोंय उद्देग संचालनालया/वतीन आयोजीत जागतीक MSME दीसाच्या पणजीत आयोजीत

केल्ल्या कार्यावळीत मुखेल सोयरे म्हण उलयताले. गोंयात सध्या उद्यम पोर्टलाचेर सत्तर हजार अशे उद्देग नोंद जाल्यात. हातूंतल्ले साठ टक्के उद्देग सेवा क्षेत्र म्हणलयार service sector जाल्यार sattyanov टक्के उद्देग सूक्ष्म विभागांत आसात .जाल्यार जागतीक मळार नव्वद टक्के MSME वेवसाय आसात.हातुल्यान साठ टक्के रोजगार तयारा जाला.जाल्यार बारीक दीसपी ह्या वेवसायातल्यान जागतीक पांवड्यार पन्नास टक्के gdp मेळटा अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या. Byte cm msme 1 min

Cm jagannath 120

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी आयज जगन्नाथ यात्रेचो रथ वोडपाची धर्मिक वीधी जाली.पणजे मिरामार सर्कल ते पणजे फेरीबोट जेटी मेरेन जगन्नाथ रथयात्रा काडली. पुरी ओरीसा हांगाच्या जगन्नाथ देवळाची चारूय dwaर उक्ते जाल्यान जगन्नाथ यात्रेक आनीक चड धर्मिक महत्व आयला अशे ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान म्हळा.तशेंच गोंयात रावपी ओडिशयाच्या नागरीकांनी गोंयची संस्कृताय आपणावची तशेंच गोंयच्या उदरगतीत हातभार लावचो अशे आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला.

गोंयात सुमार 40 हजार ओडिशाचे लोक राबीतो करतात.गोयात राबीतो करपी सा नागरीक संघटनेवतीन 2009 सावन गोयात जगन्नाथ रथ यात्रेचे आयोजन जाता अशी म्हायती समीतीची अध्यक्ष स्वर्णप्रभा मिश्रा हीणे दीली.

ह्या यात्रेक भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक,तशेंच भाजप सरचीटणीस सिद्धार्थ कुंकळ्येकार हाजीर आशील्ले. तशेंच ओडिशाचे नागरीक आni भावीक व्हडा आकड्यान हाजीर आशील्ले. Cm jagannath byte 45

Faldesai 140

आदीवासी कल्याण आनी उदरगतीच्या नदरेतल्यान केंद्र सरकारान चालीक लायीलली धरती आभा जन जातीय ग्राम उत्कर्ष येवजण गोंयात 3 जुलैयाक सांखळे मतदारसंघात launch करतले अशी म्हायती समाज कल्याण खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी दील्या. ह्या अभियिनाचो उक्तावण सुवाळो सांखळे नगरपालीकेच्या सभाघरात जातलो .ह्यावेळार केद्रीय आदीवासी कल्याण खात्याचे मंत्री jual ornam तशेंच गोंयचे मुखलमंत्री दोतर प्रमोद सावंत हाजीर आसत्ले . ह्या अभियानावरवी 50 ट्क्के आदीवासी लोकसंख्या आशील्ल्या गांवांची उदरगत जातली.गों यात आदीवासी समाज आशील्ल्या 9 तालुकातल्या 25 गावांक जातुन गोंयच्या तेवीस पूज्य आठ टक्के आदीवासी लोकसंख्येचे आसपाव आसा ह्या गावांचो ह्या अभियानात आसपाव आसा अशी म्हायती मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी दील्या.

ह्या अभीयानावरवी आदीवासी समाजाची उदरगत करपाक केंद्र सरकाराच्या 17 मंत्रालयाच्या जोडपालवान गोय सरकाराची वेग वेगळी खाती काम करतली अशी म्हायती मंत्री फळदेसाय हांणी दील्या.

गोयांत आदीवासी समाजाची साठ ते सत्तर टक्के उदरगत जाल्या .बारीक सारीक जी सुविधा पावपाची उरला ,ती सुविधा ह्या अभियानावरवी सरकार आदीवासी समाजातल्या गरजुं मेरेन पावयतले अशी म्हायती मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी दील्या.Byte faldesai

Edc rajesh 60

गोय EDCच्या स्वयंपूर्ण गोवा उपक्रमाखाला फाल्या साखळी नगरपालिका कार्यालयात सकाळी साडे धा वारांचेर एक खाशेली कार्यावळ जातली . हे कार्यावळीक

साखळी मतदारसंघाचे आमदार तसेच राज्याचे मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हे स्वयंपूर्ण गोवा उपक्रमाखाला उपस्थित नागरीकांक मार्गदर्शन करतले.या सुवाळ्याक मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हांचेवांगडा साखळेची नगराध्यक्ष सिद्धी प्रभू, उपनगराध्यक्ष आनंद काणेकर आनी हेर मानेस्त हजर आसतले. हे कार्यावळवईक नागरिकांनी वडा संख्येन हजर रावचें अशे आवाहन साखळी नगरपालिकेन केला.

Cbt ganesh 75

कर्मचारी भरती आयोगान जायरात दिल्ल्या शिक्षक, लायब्ररीयन, तांत्रिक अधिकारी पदा खातीरची पयली सीबीटी परीक्षा 27 जुलयाक जातली. परीक्षेच्या तारखे विशीची नोटीस आयोगान जारी केल्या. परीक्षेचे वेळापत्रक, ॲडमीट कार्ड उमेदवारांक इमेलाचेर धाडटले आनी ते 15 जुलय मेरेन आयोगाच्या वेबसायटीचेर उपलब्ध जातलें, अशें मंडळान कळीत केलां. आयोगान 2 मे 2025 दिसा  शिक्षक, psi , तांत्रीक अधिकारी पदा भरपा खातीर जायरात दिल्ली. शिक्षकांनी काय पदां सोडली जाल्यार हेर पदां खातीर अर्ज करपाची निमणी तारीख सोपल्या. हाका लागून आयोगान परीक्षेची तारीख जाहीर केल्या.

गणेश स्टेनो 65

कर्मचारी भरती आयोगा वरवीं भरती जावपी एलडीसी आनी ज्युनियर स्टेनोग्राफर पदां खातीर जांकां टायपींग करप शक्य ना, अशा प्रकारच्या दिव्यांगांक टायपींग चाचणींतल्यान सूट दिल्या. हे खातीर पात्र आशिल्ल्या दिव्यांगांनी 15 जुलय मेरेन कर्मचारी भरती आयोगाकडेन वैजकी मंडळ वा सीवील सर्जना कडेन प्रमाणपत्र सादर करप बंधन/कारक आसा.

एलडीसी आनी स्टेनोग्राफर पदांच्या स्कील टेस्ट खातीर आयोगान पात्र उमेदवारांची

वळेरी जाहीर केल्या. ही वळेरी कर्मचारी भरती आयोगाचे वेबसायटीचेर उपलब्ध आसा

वेदर 50

गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडांत चड तापमान 31 डिग्रीस celcius आनि उण्यांत उणे तापमान 25 डिग्री celcius इतले आसतले. फुडल्या ३-४ दिसांत पावस वाडपाची शक्यताय IMDन उक्तायल्या . दक्षिण महाराष्ट्र आनी गोयच्या दर्यादेगेर वाऱ्याचो वेग पंचेचाळीस ते पंचावन किलोमीटर आसतलो आनी 28 & 29 जून 2025 दिसा नुस्तेमाऱ्यानी दऱ्यांत vacche न्ही अशे हवामान खात्यान कळीत केला

खेळ ६०

चेन्नय हांगा जाल्ल्या पयल्या हॉकी इंडिया मास्टर्स कप बायलांच्या निमणे फेरयेत ,ओडिशान पंजाबाक एका गोलान हारयले

बायलांच्या विभागांत तिसऱ्या आनी चवथ्या क्रमांकाच्या स्थानाखातीर आयच्या मॅचींत हरियाणान यजमान तमिळनाडूचेर 4-3 अशे जैत मेळयलें. बायलांच्या विभागांत, गट अ क्रमवारींत कर्नाटक णव गूण मेळोवन क्रमवारींत आघाडीचेर आसा आनी ताचे उपरांत हिमाचल प्रदेश आसा. ब गटांत पंजाब णव गूण पटकावन मुखार आसा आनी ताचे उपरांत ओडिशा आसा.

आता खबरो सोपोवच्या पयली परत एक फावट काय मुखेल खबरो

- सरकाराच्या येवजणेचो लाव घेंवन तरणाट्यानी मध्यम ल्हान आनी सूक्ष्म मळार वेवसाय करपाच्या संधींचो लाव घेवचो अशे अवाहन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला.

- मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी आयज जगन्नाथ यात्रेचो रथ वोडपाची धर्मिक वीधी जाली
- आदीवासी कल्याण आनी उदरगतीच्या नदरेतल्यान केंद्र सरकारान चालक लायील्ले धरती आभा जन जातीय ग्राम उत्कर्ष येवजण गोंयात 3 जुलैयाक सांगो मतदारसंघात launch करतले अशी म्हायती समाज कल्याण खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी दील्या
- कर्मचारी भरती आयोगान जायरात दिल्ल्या शिक्षक, लायब्रीयन, तांत्रिक अधिकारी पदा खातीरची पयली सीबीटी परीक्षा 27 जुलयाक जातली.

आनी इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपलयो ak पणजी केंद्राचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका अयकूक मेलटले फालया सकाळी सात वरा पंचवीस मिनटांचेर नमस्कार